०७-०१-२०२६

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२५-२६त केल्ल्या घोषणेच्या अंमलबजावणेच्या नदरेत, आर्थिक वेव्हार विभागान तीन वर्सांची भौशिक-खाजगी भागीदारी (PPP) प्रकल्पांची रूपरेषा तयार केल्या.

दोन सप्तकां भितर प्रदुशणाचे सगळे स्रोत सोदून काडपाचे निर्देश सर्वोच्च न्यायालयान वायु गुणवत्ता वेवस्थापन आयोगाक दिला.

युरोपियन देश लक्ज़मबर्ग आनी भारतामदी एक महत्त्वपूर्ण भागीदारी आसा अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी म्हळा.

अमेरिकेच्या लश्करी कारवायेत व्हेनेझूएलाच्या 24 सुरक्षा अधिकाऱ्यांक आनी क्यूबाचे 32 सैनिक आनी पुलीस अधिका-यांक मरण.

इंडियन सुपर लीग सर्त १४ फेब्रुवारीसावन जातली सुरू.

PPP प्रकल्प - ८०

केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२५-२६त केल्ल्या घोषणेच्या अंमलबजावणेच्या नदरेत, आर्थिक वेव्हार विभागान तीन वर्सांची भौशिक-खाजगी भागीदारी (PPP) प्रकल्पांची रूपरेषा तयार केल्या. हे प्रकल्प रूपरेषेत केंद्रीय मुळाव्यो सुविधा मंत्रालय आनी राज्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांमदले ८५२ प्रकल्पांचा आस्पाव आसा, तांची एकूण प्रकल्प मोल १७ लाख कोटी रुपयांपरस चड आसा अशें अर्थ मंत्रालयान सांगले. ही रूपरेषा संभाव्य भौशिक-खाजगी भागीदारी प्रकल्पांची अदीक म्हायती दिता, ताकालागून गुंतवणूकदार, विकासक आनी हेर भागधारकांक अधिक माहितीपूर्ण नियोजन आनी गुंतवणुकीचे निर्णय घेवप शक्य जाता अशें मंत्रालयान मुखार सांगले.

वायु गुणवत्ता वेवस्थापन - १२०

दोन सप्तकां भितर प्रदुशणाचे सगळे स्रोत सोदून काडपाचे निर्देश सर्वोच्च न्यायालयान वायु गुणवत्ता वेवस्थापन आयोगाक दिला. मुखेल न्यायाधीश सूर्य कांत आनी न्यायमूर्ती जयमाल्या बागची हांणी आयोगाक सगळ्या तज्ञां कडेन सल्लो घेवन पावंड्यापावंड्यान चालीक लावपाक मेळपी दीर्घकाळाचे उपाय सुचवपाचे निर्देश दिल्यात. तशेंच ह्या सुचोवण्यांचो उपजिविका, उद्देग आनी भौसाचेर कसलोच वायट परिणाम जावंक फावना अशेंय न्यायालयान सांगलां. तशेंच वेगवेगळ्या तज्ञांच्या मतांचेर विचार केल्ल्यान प्रदुशण नियंत्रणाचे उपाय अपेशी थारले अशें न्यायालयान म्हळे.

अपर सॉलिसिटर जनरल ऐश्वर्या भाटीन अहवाल सादर करपा खातीर दोन म्हयने वेळ दिवपाची विनवणी केल्ल्यान खंडपिठान खर प्रतिक्रिया दिली. पूण न्यायालयान आयोगाक आनीक दोन सप्तकांचो वेळ दिवन ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखे मेरेन कृती आराखडो सादर करपाचे निर्देश दिले. सर्वोच्च न्यायालयान मांडील्ल्या जायत्या प्रस्नांचेर आयोगाच्या स्थिती अहवालांत मौन आसा अशेंय न्यायालयान सांगलें.

पियुष गोयल - ९०

पियुष गोयल

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल ह्या महिन्याच्या ८ तारखेक दोन दिसांच्या ब्रुसेल्स भोवंडेर  वतले. ही भेट भारत आनी ब्रुसेल्समदल्या वाडट्या राजनितिक आनी तांत्रिक संबंद दाखोवन दिता अशें मंत्रालयान म्हळा. तशेच भारत-ईयू मुक्त वेपार कबलातीक निमणे स्वरूप दिवपाच्या दिकेन एक निर्णायक पावल आसा अशेंय मंत्रालयान म्हळा. हे भेटीवेळार, मंत्री गोयल युरोपियन युनियनचे वेपार आनी आर्थिक सुरक्षा आयुक्त मारोस सेफकोविच हांचेकडेन उच्चेल्या पावंड्यार चर्चा करतले. कापड, चामडे, वस्त्रे, रत्ना आनी भांगर  आनी हस्तकला ह्यासारक्या श्रम-केंद्रित वस्तूंचेर कसलेच शुल्क लागू न करपाखाती भारत यत्न करतलो अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान म्हळा.

VAISHNAV 100

कृत्रिम बुध्दी मनशाच्या जिवितांत व्हड बदल घडोवन हाडटा अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितिन प्रसाद हांणी सांगलां. ते आयज जयपूरांतल्या जेईसीसींत जाल्ल्या प्रादेशिक एआय इम्पॅक्ट कॉन्फरन्स 2026 वेळार उलयताले. आतां सगळ्या क्षेत्रांनी आर्टिफिशियल इंटेलिजन्सचो व्हड प्रमाणांत वापर जावपाक लागला, जाका लागून क्षमता वाड जावपाक लागल्या अशें तांणी सांगलें. हे वेळार उलय्ताना इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हानी म्हणले कि जशी वीज प्रत्येक मणीस घर आणि उदेगाकडे पावली तशेच AI पाव्पाक जाय byte

राजस्थानात जयपुरात जेन्ना आपुन आयीलो तेंना अपने दोन संकल्प केले ते म्हणजे इलेक्टोनिक मेनूफेकचरिंग ट्रेनिंग सेटर आणि एक व्हड data सेंटर उबारपाचे अशे ते उलयले byte

जयशंकर - १२०

युरोपियन देश लक्ज़मबर्ग आनी भारतामदी एक महत्त्वपूर्ण भागीदारी आसा आनी दोन्ही देशांमदले फिनटेक, अंतरीक्ष आनी यांत्रिक बुद्धिमत्ता, मळार बरी वाड जाव येता अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ सुब्रमण्यम जयशंकर हांणी सांगले. डॉ. जयशंकर फ्रान्स आनी लक्झेंबर्गच्या स दिसांच्या भोवंडेर  लक्झेंबर्गात आसात. तांणी लक्झेंबर्गचे प्रधानमंत्री लुक फ्रीडेन आनी उपप्रधानमंत्री-सह-विदेश वेव्हारमंत्री झेवियर बेटेल हांची भेट घेतली. द्विपक्षीय भागीदारीशिवाय, लक्झेंबर्गान युरोपियन युनियनवांगडा भारताचे संबंध घटमूट करपाक लेगित म्हत्त्वाची भूमिका वठयल्या अशेंय तांणी सांगले. डॉ. जयशंकर हांणी अर्थ, गुंतवणूक, तंत्रगिज्ञान, डिजिटल सेवा आनी प्रतिभेचो वापर ह्या मळार लक्झेंबर्ग फुडा-यांकडेन सहकार्य वाडोवपाचेर चर्चा केली. तांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची परबी दिली आनी लक्झेंबर्गच्या ग्रँड ड्यूक गुइलॉम हांचीय भेट घेतली. विदेश वेव्हार मंत्री डॉ जयशंकर लक्झेंबर्गात भारतीय समुदायाच्या वांगड्यांकडेन लेगित संवाद सादतले.

अमेरीका - व्हेनेझूएला - ८०

शेनवारा अमेरिकेच्या लश्करी कारवायेत 24 सुरक्षा अधिकाऱ्यांक मरण आयिल्ल्याचें व्हॅनेझुएलाच्या लश्करान सांगले. हाका लागून हे कारवायेंत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 56 चेर पावला. अमेरिकेन केल्ल्या हल्ल्यांत आनीकूंय नागरीकांक मरण आयिल्ल्याचें कळटा, पूण अचूक आंकडो आजून कळूंक ना.

अमेरिकेच्या झुजाच्या गुन्यांवांत आनीकूंय अधिकारी आनी नागरीकांक मरण आयला आनी ह्या प्रकरणाची चवकशी जातली अशें व्हॅनेझुएलाच्या ॲटर्नी जनरलान काल सांगलें.

हाचे आदीं क्यूबा सरकारान आयतारा अमेरिकेच्या हल्ल्यांत क्यूबाचे 32 सैनिक आनी पुलीस अधिका-यांक  मरण आयले अशें सांगिल्लें. तशेंच क्युबान तांच्या सन्मानार्थ दोन दीस शोक जाहीर केलो.

जे एन यु - १४०

५ जानेवारी २०२६ क जवाहरलाल नेहरू विद्यापीठातल्या साबरमती वसतीघरा भायर JNUSU कडेन संबंधित विद्यार्थ्यांनी, ५ जानेवारी २०२० दिसा JNUत जाल्या हिंसाचाराच्या स वर्सा पूराय जाल्ल्या निमतान, "गुरिल्ला ढाब्यासयत प्रतिकाराची रात" ह्या शीर्षकाखाला एक कार्यावळ आयोजित केल्ली. कार्यावळीच्या सुरुवेक , जमिल्लो जमाव फकत हे कार्यावळी पुरतोच मर्यादित आशिल्ल्याचे दिसताले. घडणूक थळार ३०-३५ विद्यार्थ्यां हाजीर आशिल्ले. पुण हे कार्यावळीवेळार , उमर खालिद आनी शरजील इमाम हांच्या जामीन अर्जांवेल्या न्यायालयीन निर्णया उपरांत जमिल्ल्या जमावाचे स्वरूप आनी सूर बदल्ले. काय विद्यार्थ्यांनी आक्षेपार्ह, चिथावणीखोर आनी प्रक्षोभक अश्यो घोषणा दिवपाक सुरुवात केली. अश्यो घोषणा दिवप हे लोकशाय विरोधात आसा. हाकालागून JNU आचारसंहितेचे उल्लंघन तशेच भौशीक सुवेवस्था, कॅम्पसमदलो सलोखा, तशेच विद्यापीठाची सुरक्षा आनी संरक्षण आनी वातावरण इबाडपाची शक्यताय निर्माण जाली. घडणूक थळार , सुरक्षा विभागाचे अधिकारी हाजीर अशिले आनी तांणी परिस्थितीचेर नदर दवरली. ह्या घडणूकेच्या संदर्भात BNS च्या संबंधित कलमांखाला मुखेल सुरक्षा अधिका-यान एफआयआर दाखल केला.

हवामान

हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी उदेंत राजस्थानांत दाट धुकें पडपा खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. तशेंच जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, अस्तंत राजस्थान, उत्तराखंड, बिहार, अस्तंत बंगाल, मध्य प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनीय दाट धुकें येवपाची शक्यताय आसा. आयज छत्तीसगढ, झारखंड, ओडिशा आनी विदर्भ हांगा कांय सुवातींनी थंड ल्हार येवपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, पंजाब, हरियाणा आनी चंडीगढ हांगा उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 अंश देंवू येता. फुडले दोन दीस बंगालच्या खाडी, मन्नाराच्या आखातांत आनी भोंवतणच्या वाठारांनी खर वारें येवपाची शक्यताय आसा.

इंडियन सुपर लीग -  ६० ए

इंडियन सुपर लीग सर्त १४ फेब्रुवारीसावन सुरू जातली अशी घोषणा काल खेळा मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी केली. हे सर्तीत चौदा पंगड वाटेकार जातले, तातूंत मोहन बागान आनी ईस्ट बंगाल हांचो आस्पाव आसा.  हे लीगात एकूण ९१ मॅचीस जातल्यो. अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघाचे अध्यक्ष कल्याण चौबे हांणी सांगले दुसऱ्या विभागातल्या आय-लीग सर्तीत लेगित तेच वेळार परतून सुरू जातल्यो, तातूंत ११ पंगड  आनी ५५ मॅचीस जातल्यो.